97/C

## गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो माळो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 7 वर्स 2018**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 27.07. 2018 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो सुचोवण्यो जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

### I. गोंय वैजकी महाविद्यालय

**1. बालरोगतज्ञ शस्त्रक्रिया प्राध्यापक (Professor in Paediatric surgery) .... 1 पद (दुसरे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू. 37,400- 67,000+8700/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 13 प्रमाणें) **पिराय** - 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) च्या

96/C

कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम. (iii) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय/ वैजकी पदवी (डी.एम)/ मास्टर ऑफ चिरूरजिया (एम.सीएच) ची पात्रताय पदवी मेळयल्या उपरांत उण्यांत उणो 10 वर्सां शिकोवपाचो / संशोधनाचो अणभव आसूंक जाय.

***टीप:* तीन वर्सां कालावधीची वैजकी पदवी (डी.एम) / मास्टर ऑफ चिरूरजिया (एम.सीएच) ची पदवी प्राप्त उमेदवाराक पात्रताय पदवी मेळयल्या उपरांत उण्यांत उणो 9 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.**

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– मराठीचें गिन्यान.

**2. बालरोग शस्त्रक्रियेंत व्याख्यातो_** ( Lecturer in Paediatric Surgery) ...... **1** पद

**(दुसरे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+6600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी. (iii) शिक्षणीक संस्थेंत / वैजकी महाविद्यालयांत संबंदीत विशेशतायेंत वरिश्ठ निवासी/ निबंधक/ शिक्षक/ प्रात्यक्षिका करपी म्हूण उण्यांत उणो 3 वर्सां शिकोवपाचो अणभव आसूंक जाय.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** मराठीचें गिन्यान.